महात्मा गांधी जयंती निमतान राज्यपालाचो संदेश

ता. 1 ऑक्टोबर 2026

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी महात्मा गांधी जयंती निमतान गोंयच्या लोकांक परबीं दिल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, गांधी जयंतीच्या प्रसंगार हांव गोंय आनी देशांतल्या लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

राज्यपाल म्हणटा, महात्मा गांधीजींची जीण ही सत्य, अहिंसा, सादेपण आनी मानव सेवेचे आदर्श उदाहरण आसा. तांचे भारताविशींचे व्हिजन न्हय फकत राजकीय स्वातंत्र्यात, जाल्यार सामाजीक सलोखो, श्रमप्रतिश्ठा, आत्मनिर्भरता आनी समाजाप्रती प्रत्येक नागरिकाच्या जापसालदारकेतय आस्पावीत आसा.

नितळसाण ही निरोगी आनी प्रतिश्ठीत जीणेचो अत्यावश्यक भाग आसा, अशें गांधीजी मानताले. स्वच्छ भारत दीस पाळप, ते खातीर म्हत्वाचे आसा, जे वरवीं आमच्या सरभोवतणी नितळसाण जाता. आमचो देश खऱ्यानीच नितळ उरतलो जाल्यार आमची सवय, मनोवृत्ती आनी वागणूकेत शाश्वत बदल आवश्यक आसा.

गांधी जयंती मनयतना आमी आमच्या सरभोवतणी नितळसाण राखप, आमचे पर्यावरण सांबाळप, भौशीक सुवातांचो आदर राखप आनी आमच्या समाजाखातीर आमचे योगदान दिवपाची आमची जापसालदारकी वाडोवया. नितळसाण ही नैमित्तीक मोहिम न जाता दिसपट्टी शिस्त आनी सगळ्यांची जापसालदारकी जावपाक जाय.

गांधीजींची सदाकाळ आदर्श तत्वां आचरणात हाडपाक आनी नितळ, स्वस्थ, अदीक मायेस्त आनी जापसालदार भारता खातीर एकवटान काम करपाक ह्या दिसा पसून आमकां प्रेरणा मेळू, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/665

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.